**Panaji Regional News**

**06 march 2026** **7.20 pm**

**अर्थसंकल्प मुख्यमंत्री**

मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सादर केल्ल्या गोंयच्या 2026-27 वर्साच्या अर्थसंकल्पांत वट्ट 30,195 कोटी रुपया खर्च करपाचो प्रस्ताव आसा, जो 7.21 टक्क्यांनी वाड दाखयता, वट्ट उत्पन्नाचो अदमास 29,181 कोटी रुपया आसा. अर्थसंकल्पांत 1666 कोटी रुपयांची येणावळ उरिल्ली अपेक्षा आसा गोंयचो दर मनशाक जीएसडीपी 8.18 लाख रुपया अदमास आसा, जाल्यार 2026-27 वर्सा वट्ट जीएसडीपी 1.31 लाख कोटी रुपया मेरेन पावपाचो अदमास आसा अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें आनी राज्याक केंद्र सरकारा कडल्यान म्हत्वाचो अर्थीक आदार मेळटा अशें सांगलें.आज्सावन संसदेचे अधिवेशन सुरु जाले.आजच्या दिसा मांडीले काय ठळक मुद्दे म्हण्ल्यार 10 वर्सां कंत्राटी कामगारांक कायम करतले, सरकारी नोकरी आनी शिक्षणांत अनाथ भुरग्यां खातीर आरक्षण, तिसऱ्या जिल्हया खातीर व्हिजन कुशावती दस्तावेज तयार करपाचे आसात,शिक्षणा खातीर निधी वाटप 3400 कोटी दितले, शिक्षणीक उत्कृश्टताय येवजण,आनी पायलट इतसूकांखातीर मुख्यमंत्री उडान भरारी योजना सुरू करतले, धारबांदोडा आणि सांगे हांगा नवीन आयटीआय येतले. पिवपाच्या उदका खात्या खातीर 1009 कोटी रुपयांचो निधी दितले.अयोध्येत रामनिवास बांदपा खातीर गोंय सरकारान 25 कोटी रुपयांनी जमनीचो प्लॉट घेतला आनी अंदू बांदकाम सुरू जातलो अशी म्हायती मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिली. तांणी फुडें सांगलां की, पंढरपूर आनी वलांकिणींतल्या विठ्ठल राखुमाई यात्री निवासां खातीर जमनीचो संपादन सुरू आसा.पिवपाच्या उदका खात्या खातीर 1009 कोटी रुपयांचो निधी दिला.

**NEP**

शैक्षणिक वर्स एप्रिलात सुरु करप समा न्ही. शैक्षणिक वर्सा पयली बशेन जुन म्हयन्यासांवन सुरु करचे अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांण केल्ली, मात एप्रिल म्हयन्यातले फकत २० दिस पयली शैक्षणिक वर्स सुरु जाता, ताका आक्षेप आसपाक जायना. राश्ट्रीय शिक्षण धोरणाप्रमाण अभ्यासक्रमाचे १२०० दिस भरपाक जाय म्हण शैक्षणिक वर्सा एप्रिलातल्यान सुरु केला अशे मुखएलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. हे करतना शऐक्षणिक मळावेल्या जाळवणादारांचो सल्लो घेतला अशे मुखेलमंतत्र्यान म्हळा. सुरवेक केपेचे आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी संबंधित प्रस्न उप्राशित केल्लो ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी शाळांच्या इमारतीची सध्या बाबत स्थिती आसा. अशा शाळांची दुरुस्ती पयली सरकारान करची, मागीर शैत्क्षणिक वर्स सुरु करचे अशी मागणी केल्या. ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्र्यान आजुनमेरेन ५६८ शाळांचे structural safety audit केला. जाल्यार ३०२ शाळांचे structural safety audit करपाचे बाकी आसा , आनी ९ शाळांची इमारत सामकी

बाबात स्थितीन आसा अशी म्हायती दिल्या. मे म्हयन्यामेरेन ह्या शाळांचे स्ट्रकचरल सेफ्टी ओडीट करता अशे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिला. ह्यावेळार बाणावलीचे आमदार वेन्झी विएगश हांणीहांणी सगळ्या मुळाव्या शाळांनी उजो पोलवपी यंत्रणा आसची अशी मागणी केल्या.

**भाजी पिकावळ**

गोंयच्या भाजी पिकावळ घेवपी शेतकारांक राज्य सरकाराकडल्यान दितात त्या हमी भावात वाढ करपाची गरज आसा. ती केन्ना मेरेन करतले काय असो प्रस्न पेडेणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी केला. इंब्रामपुरच्या शेतकारांक भाजी घालपाखातीर पेडण्या येवप पयस जाता , ताका लागुन इब्रामपुर वाठारात आनीक procurement center सरकारान सुरु करचे, कोल्ड स्टोरेज सुविधा दिवची, तशेंच कुंपणाखातीर सवलतीचो लाव दिवचो तशेंच ल्हान आकाराच्य जमनित जे भाजी रोयताता, तांकांय भाजयेविंशी चालीक लायिल्लया सरकारी येवजणेचो लाव मेळोवन दिवचो अशी मागणी ह्यावेळार आमदरा प्रवीण आर्लेकार हांणी केल्या. ह्या वेळार मुखेलमंत्री तशेंच शेतकी मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी भाजयेच्या पिकावळीचेर दिताता तो हमी भाव पाच वर्सा आदि रिवायस केल्लो.ते उपरातं तो करुंक ना, ताका लागुन हमीभाव वाडोवपाविंशी विचार करताअशए म्हणला

**जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस**

मडगाव: कुशावती जिल्लो खनिज फावंडेशन समितीची बसका आयज जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. ही बसका मडगावच्या माथानी साल्ढाना प्रशासकीय इमारतीच्या सभाघरांत जाली. हे बसकेंत जिल्लो खनिज फावंडेशन निधीचो जिल्लो संदर्भांत प्रभावी वापर करपा विशीं चर्चा जाली. तसेच ह्या निधी खाला जिल्ह्यांत चालू आशिल्ल्या उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेतलो. ह्या निधीचो वापर करुन भलायकी, शिक्षण, पिवपाचें उदक आनी हेर सुविधांनी सुदारणा करपा संबंदी चर्चा जाली अशी म्हायती सुत्रांनी दिली.हे बसकेंत जिल्लो खनिज फावंडेशनाचे वांगडी सचीव अभिर हेदे, उपजिल्होधिकारी- वेल्टन तेलीस, समितीचे हेर वांगडी आनी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

**मिराबाग आंदोलक विधानसभे**

सावर्डे - मिराबाग हांगा येवपी धरणाक विरोध करपी चार आंदोलक आयज थेट विधानसभेच्या अतिथी कक्षात पावले. सुरवेक विदानसभा सुरु जाल्या उपरांत तांणी ह्या प्रकल्पाक विरोध करपी कागदी तक्ते घेत आमका नाका, आमका नाक, मिराबाग हांगा येवपी धरण आमका नाका अशी घोशणा दिला. शिस्तभंग जाल्या ह्या प्रकरणाचेर खर आक्षेप घेत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्या आंदोलकांक अटक करची अशी मागणी सभापती गणेश गांवकार हांचेकडेन केली. फार्तेडोचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी मिराबाग वाठारात धरण नाका म्हण फाट्लया २७ दिसासांवन

थळावे लोक आंदोलन करतात, मात  सरकारान हया विशयाकडे  गर्भीयान पळयिल्ले ना असो आरोप केलो. त्याचेवेळार  संबंधित  आंदोलक  उठोन उबे रावले आनी अतिक्षी कक्षातल्यान संबंधित घोशणा दिल्यो.सभाघरात अशा प्रकारची निर्दशना उपकरना. ही शिस्तभंग अशे म्हणीत  संबंधित आंदोलककाराचेर कारवाय करची अशी मागणी हयावेळार स्तताधारी पक्षान केल्या.  उदकास्त्रोत  मंत्री  , तशेचं  वीज  मंत्री  सुदिन ढवळीकार हांणी सा पद्दतीच्य वागणुकीचो निशेध केला. गोंयच्या सभाघरात अशा पधद्तीची घडणुक  पयलेच पावट घडला अशे तांणी  म्हणला. तशेचं  वेंचणुक  जिखपाक जाय म्हण अशा  पध्दतीचे स्टंट करप  समा न्ही अशे आमदार  सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला.जाल्यार हे आंदोलन करपी ४ मनशांक पुलिस  सुरक्षा  रक्षकांनी उपरांत अतिथी कक्षातल्यान उखलुन भायर व्हेले.

**महिला दिसा बेतोडा**

फोंडे तालुक्यातल्या बेतोडा गावांत आंतरराष्ट्रीय महिला दिसाच्या निमताात ८ मार्चाक बायलांचो मेळावो घडोवन हाडला. बेतोडा ग्राम पंचायत सभाघरात हो मेळावो जातलो. उदका स्रोत मंत्री सुभाष शिरोडकर , खेळ आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर आनी हेर मानेस्त हया सुवाळ्याक हाजीर रावतले. हया मेळाव्यात स्त्री रोग चिकीत्सक डॉ. पूर्वा सहकारी हांचे खासा मार्गदर्शन सत्र जातले. बोरी जिल्हो पंचायत वांगडी पूनम सामंत , शिरोडा जिल्हो पंचायत वांगडी डॉ. गौरी शिरोडकर तशेंच शिरोडा आनी बोरी  हया दोनूय पंचायतींचे पंच आनी सरपंच हया कार्यावळीक हाजीर रावतले. हया मेळाव्या मजगती पाककला सर्त , फुलांचे हार तयार करपाची सर्त तशेंच हेर सर्तीचोय आसपाव आसा.